## बसकेत केंद्रीय आदिवासी कल्याण येवजणांचो आढावो

ता. 29 नाव्हेंबर 2017
8 मार्गशीष 1939

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री श्री. सुदर्शन भगत हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज पर्वरी सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात जाल्ल्या वर्सूकी बसकेत केंद्रीय आदिवासी कल्याण येवजणांच्या अंमलबजावणीचो नियाळ घेतलो.

बसकेक आदिवास कल्याण संचालक श्री. वेनान्सियो फुर्तादो, गोय राज्य जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. अजीत पंचवाडकर, जमात कल्याण सचिव श्री. पी. एस.रेड्डी आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

गोंय राज्यात एकलव्य निवासी शाळा, ट्रायबल सब-प्लन येवजण, आश्रम बांदणी, आपरोजगार येवजण, वाहन चालक प्रशिक्षण, आदिवासी कल्याणाचे कार्य करपी आपवावूरपी संस्थाक अर्थीक मदत, एसटी विद्यार्थ्यांक पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती, बुक बँक, प्रि-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती, रानहक्क अशा वेगवेगळ्या केंद्रीय येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता.

श्री. भगत हांणी आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या संचालकाक केंद्रीय आदिवासी कल्याण येवजणाचो लाव घेवपाखातीर केंद्र सरकाराक प्रस्तांव सादर करपाक सांगले.